२३-०४-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो :

मुखेलमंत्री - दिवचल - ६०

दिवचलेच्या प्रशासकीय इमारतीचो तेपाचो हो प्रकल्प २०२७ मेरेन पुराय जातलो अशें मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हाणी सांगला. रोकडेंच ह्या इमारतीचें भुमीपुजन जातलें अशेंय मुखेलमंत्र्यांनी इमारतीखातीरच्या जागेची पळोवणी केल्या उपरांत सांगलें.

संबंदीत इमारतीचो प्रकल्प सुमार ८० कोटी रुपयांच्या खर्चाचो आसा. हे इमारतींत सगळीं सरकारी कार्यालयां आस्पावीत करतले जेवरवीं सगळ्या नागरिकांक एकेच इमारतिंत सगळ्या कामाची सोय जातली अशें मुखेल मंत्र्यांनी सांगलें.

गोंय पशुवैजकी विज्ञान महाविद्यालय - ८०

नव्या शैकक्षणिक वर्सासांवन गोंय पशुवैजकी विज्ञान महाविद्यालय सुरू करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी काल दिली. मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या अघ्ध्यक्षतायेखाला आयज पर्वरे मंत्रालयात ह्या म्हाविद्यालयाविशी काल खासा बसका जाली.

ह्या प्रकल्पाक लागपी जमीन, मुळावी बांदावळ सुदारप, कर्मचारी भरती, प्रयोगशाळा, लायव्ह स्टोक फार्म तशेचं हेर साधन सुविधा विंशीच्य कामांक आयज परवानगी दिल्या.

फोण्या - कुर्टी प्रस्तावीत केल्ल्या ह्या म्हाविद्यालयांत बीव्हीएससी आनी ए.एच अभ्यासक्रमाची 60 सीटा विद्यार्थ्यांखातीर आसतली अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान ह्या बसके उपरातं दिल्या.

मुखेलमंत्री मये पोलिटेक्निक - ५०

मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी मये पोलिटेक्निक कॅम्पसाक भेट दिली. मयेच्या ह्या पोलिटेक्निकात सरकारावतीन नव्यान अधिक अभ्यासक्रम चालीक लायतले, अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यानी हे वेळार दिली. (byte)
हेवेळार मुखेलमंत्र्यांवांगडा मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट तशेच दिवचलचे आमदार डॉ. चंद्रकांत शेट्ये हाजीर आशील्ले. संबंदीत पोलिटेक्निकावरवी नवे नवे अभ्यासक्रम भूरग्यांक उपल्ब्ध करुन दिवपाचो सरकाराचो विचार आसा, अशेंय मुखेलमंत्र्यांनी सांगले.

\राष्ट्रीय शिक्षण धोरण - ८०

राष्ट्रीय शिक्षण धोरण २०२० प्रमाण माध्यमिक शाळा पांवड्यार वेवसायीक आनी तकनिकी शिक्षण सुरू जाल्यान सगळ्या शाळा मुखेल्यांनी नववी आनी धावेच्या विद्यार्थ्याक लागीच्या उद्देगीक प्रशिक्षण संस्थेत व्हरून हाडचे अशें शिक्षण संचालनालयान मांगलां. शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी आयज हे संबंधीचे परिपत्रक जारी केला. माध्यमिक पांवड्यार आता वेवसायीक शिक्षण, कुशळटाय शिक्षण तशेंच तकनिकी शिक्षण सक्तीचे आसतले. दरेका विद्यार्थ्यान उण्यांत उणी एक वेवसायीक वा तंत्रीक कुशळटाय शिकची पडटली आनी हेर वेगवेगळ्या कुशळटायेची वळख करून घेवंची पडटली अशें धोरणांत स्पश्ट केलां.

ड्रग्स कारवाय -

गोंय पुलिशेच्य घुवळी वखदा विरोधी फाट्यान काल शिवोले 11.07 कोटी रुपयाची घुवळी वखदांचो वेव्हार करपी केरळाच्या एका नागरीकाका शिवोले अटक केल्या.पुलिशेकडल्यान मेळिल्ल्या म्हायतीप्रमाण ह्या मनशाचे नाव मोहम्मद अशे कळटा. तो फाटल्या पाच वर्सासावंन गोंयात राबीतो करता, तशेंच फ्लॅट आनी गाडओ भाड्याक दिवपाचो तो वेवसाय करता अशी म्हायती मेळ्ळ्या.ह्या कारवायेत पुलिशेन 11.07 कोटी रुपया बाजारभाव आशिल्ले LSD पुलिशेन जप्त केल्यात. हे विंशी फुडली कारवाय सुरु आसा.

हवामान-११०

राज्यांत चडांत चड आनी उण्यांत उणे तापमान वाडिल्ल्यान राज्यांतली गरमी सोसपा भायर वाडल्या.पणजेंचें तापमान चडांत चड। ३५. अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान २७. अंश सेल्सियस इतलें नोंद जालां. फुडल्या सात दिसां खातीर राज्यांत चडांत चड तापमान ३५ तें ३६ अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान। २६ तें २७ अंश सेल्सियस मदीं आसतलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.फुडल्या३ तें ४ दिसांत चडांत चड तापमान १ तें २अंश सेल्सियस वाडपाची शक्यताय आसा.२३ ते२७ एप्रील ह्या काळांत राज्यांतलें हवामान सुकें उरपाची शक्यताय आसा.मजगतीं, राज्यांत १मार्च तें २१ एप्रील ह्या काळांत सरासरी १२ मिमी आडवेळ्या पावसाची नोंद जाल्या.

आयपीएल - ७०

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती जाल्ल्या खेळात दिल्ली कॅपिटल्स पंगडान लखनौ सुपर जायंट्स पंगडाक ८ गड्यानी हारयले.

पयली फलंदाजी करताना लखनौ सुपर जायंट्स पंगडान निर्धारीत २० षटकांत ६ बाद १५९ धावंड्यो केल्ल्यो. दिल्ली कॅपिटल्स पंगडान १७.५ षटकांत लखनऊ पंगडान दिल्ले १६० धावंड्यांचे मोख हुंपले.

गुणतालीकेत दिल्ली कॅपिटल्स पंगड सद्या दुसऱ्या, जाल्यार लखनौ सुपर जाईंट्स पंगड पाचव्या सुवातेर आसा.

सनरायझर्स हैदराबाद पंगड आयज मुंबई इंडियन्स पंगडा आड खेळतलो. हो खेळ हैदराबादच्या राजीव गांधी आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमात सांजे ७.३०क जातलो.